# पंचायत पातळीचेर ग्राम स्वराज्य अभियान

ता.17 एप्रिल 2018
27 चैत्र 1940

पंचायत संचालनालयावतीन स्वच्छ भारत अभियान, प्रधानमंत्री उज्ज्वला योजना, किसान कल्याण योजना, इंद्रधनुष मिशन, उजाला योजना आनी हेर येवजणाविशी ग्राम पातळीचेर जागृती निर्माण करपाखातीर ता. 14 एप्रिल ते 5 मे 2018 मेरेन ग्राम स्वराज्य अभियानाचे आयोजन केला.

सामाजिक सलोखो वाडीक लावप, गरीब आनी गरजू लोकांक वेगवेगळया येवजणांची म्हायती करून दिवप, जीवनमान सुदारपाच्यो संदी उपलब्ध करून दिवप, नितळसाणविशी जागृती करप, पंचायत राजसंस्था मजबूत करप हो हया अभियानाचो उद्देश आसा. अभियान काळात पंचायत पातळीचेर वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजित करपात येतले.

भारतरत्न डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांच्या जयंती दिसा हया अभियानाची सुरूवात जाली. हया दिसा राज्यात साबारकडेन रॅली, सर्ती, भलायकी शिबिरा आनी हेर कार्यक्रम जाले.

18 एप्रिल दिसा राज्यात स्वच्छ भारत दिस मनयतले आनी रॅली, चित्रकला सर्ती, रांगोळी सर्ती, नितळसाण श्रमदान अशें कार्यक्रम जातले.

24 एप्रिल दिसा राष्ट्रीय पंचायतराज दिस मनयतले. हया दिसा दनपरा बाल ग्राम सभांचे आयोजन करतले. ग्रामसभांनी भुरग्यांच्या समस्याचेर चर्चा जातली.

उत्कृश्ट प्रशासनाचेर उजवाड घालपी पोस्टर, बॅनर्स, छायाचित्र आनी ऑडिओ-व्हिज्यूअल साहित्याचे प्रदर्शन आयोजित करतले. प्रत्येक ग्रामपंचायतीत 24 एप्रिलाक सकाळी 10.00 वरांचेर खास ग्रामसभेचे ओजन करतले. ग्रामसभेत सपनातले गोंय सोबीत गोंय, पिवपाचे उदक आनी नितळसाण विशयाचेर चर्चा जातली.

24 एप्रिलाक पंचायतराज दिसा वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजित करपाखातीर प्रत्येक पंचायतीक सरकारान धा हजार रूपया आर्थिक मदत मंजूर केल्या.